## राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती 'दिसानिमतान परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ''गोंय मुक्ती दिसाच्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

गोंय, भारत देशाचे 25 राज्य 1961 वर्सा पोतुगीज राजवटीतल्यान मुक्त जालें. वेगळे राज्य जावचे पयली 30 मे 1987 मेरेन ते गोंय, दमण आनी दीव संघप्रदेशाचो भाग आशिल्ले.

19 डिसेंबर हो दीस न्हय फकत गोंयच्या लोकांखातीर, जाल्यार आमच्या देशाच्या उर्वरीत लोकांखातीरय एक म्हत्वाचो दीस, कित्याक तर 1961 वर्सा हयाच दिसा भारताच्या भुयेंतल्यान परकीय राजवट सोपली. आमच्या अभिमानी आनी निःस्वार्थ स्वातंत्र्यसैनिकांनी दीर्घ काळामेरेन चलयिल्ल्या स्वातंत्र्य चळवळीचे आनी हया प्रदेशाचो ताबो मेळयिल्ल्या आमच्या सैन्य दळांच्या धाडशी जवानांचे उपकार मानूया. म्हाका खात्री आसा, की जेन्ना आमी हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या मोलादीक योगदानाचो उगडास करतात तेन्ना प्रत्येक गोंयकाराचे काळीज प्रेरणा आनी अभिमानान भरून येता आसतले. म्हाका दिसता हो वर्सूकी दीस सुवाळो म्हळयार तांच्या पवित्र उगडासाक महानतेची आर्गा जांवन आसा.

गोंय, सैमीक सोबीतकायेची भुंय पर्यटकांचे एक व्हड आकर्शण जावन आसा. सैमाची सोबीतकाय लाभिल्ल्या हया ल्हानशा राज्यात संवसारभरातल्यान प्रत्येक वर्सा लाखांनी पर्यटक भेट दिता, हातूत कसलेच अजाप ना. जरी हे भारतातले एक ल्हान राज्य आसले तरी प्रत्येकाच्या गरजेप्रमाण गोंयात पळोवपासारखे भरपूर आसा. गोंयात पर्यटकांक पळोवपाखातीर अनेक दर्यावेळों, देवळां, चर्ची, इतिहासिक स्मारका आनी हेर स्थळां आसात. गोंयात वर्सभर पर्यटकांक विरंगुळो घेवपाक, पार्टी मनोवपाक वा संस्कृतीचो आस्वाद घेवपाची संद मेळटा. भारताच्या पश्चिम वाठारातले गोंय आपली सैमीक सोबीतकाय, दर्यावेळो आनी विभिन्न सांस्कृतीक परंपरेक लागून पर्यटकांचे नंदनवन जावन आसा.

गोंय हे देशातले नेटान प्रगती करपी राज्य आसा. आयटी, शेती, पर्यटन आनी फार्मास्युटीकल सारख्या उद्देगीक क्षेत्रातल्या मजबूत प्रगतीक लागून गोंयची नेटान आर्थिक वाड जाल्ली आसा. सामाजिक, भौतिक आनी उद्देगीक साधन सुविधांच्या बाबतीत गोंयची

बरी उदरगत जाल्ली आसा.  गोंय हे आंतरराष्ट्रीय दाबोळी विमानतळान देश आनी हेर संवसाराकडेन जोडिल्ले राज्य आसा. गोंयात मोपा हांगा रोकडोच आनीक एक आंतरराष्ट्रीय विमानतळ जावपाचो आसा आनी ताचे बांदकाम नेटान चालू आसा.  तशेंच गोंयात म्हत्वाच्यो बंदर साधन सुविधांय आसा.

गोंय राज्य बायोटॅक्नोलॉजी आनी आयटी सारख्या गिन्यानाचेर आदारीत उद्देगांखातीर म्हत्वाचे डेस्टिनेशन जावपाच्या मार्गार आसा.  इनोव्हेशन आनी तंत्रज्ञानाचो वापर करून गोंयची उदरगत वाडोवपाच्या उद्देशान आनी सुमार धा हजार नोक-यो निर्माण करपाच्या ध्येयान सरकारान जुलय 2018 त गोंय आयटी धोरण चालीक लायला. नव्या आयटी धोरणा वरवीं कमीत कमी पाच मोठया बहुराष्ट्रीय आयटी कंपन्याक गोंयाकडेन आकर्शित करून सरकार थळाव्या सुशिक्षित तरणाटयांखातीर आठ ते धार हजार नोक-यो निर्माण करतले हे जाणून म्हाका उमेद जाता. गोंय आयटी धोरण 2018 त साधन सुविधांचो विकास, आर्थिक सुविधा, प्रशासन आनी मनीसबळ विकासाचेर भर दिल्लो आसा.  गोंय हे भारतातले स्टार्टअप येवजणेखातीर म्हत्वाचे डेस्टिनेशन म्हुण फुडें हाडपाच्या उद्देशान राज्य सरकारान एप्रिल 2018 त आपले स्टार्टअप धोरण चालीक लायले आनी त्याखातीर व्हेबसायटय सुरू केल्ली आसा. 2025 मेरेन गोंय हे आशियातल्या पयल्या 25 स्टार्टअप डेस्टिनेशनातले एक डेस्टिनेशन करपाचो सरकाराचो उद्देश आसा. म्हाका दिसता इनोव्हेशन आनी विकासाचेर भर दिवपा वांगडाच उदरगतीच्या मळार उंची गाठपाखातीर आयटी आनी स्टार्टअप धोरण हे मोठे पावल आसा.

पर्यटन हे गोंयच्या अर्थवेवस्थेची मोठी घटाय आसा आनी हया मळार चडातचड सुदारणा घडोवन हाडपाक सरकार यत्न करीत आसा.  हया वर्साच्या ऑगस्ट म्हयन्यासावन गोंय पर्यटन विकास महामंडळान पयली वयली ॲप आधारीत टॅक्सी सेवा सुरू केल्या.  पर्यटक आनी प्रवाशांची फटवणूक जावची न्हय तशेंच टॅक्सी चालकांचे उत्पन्न वाडचे म्हूण गोवा माईल्स नावान ही ॲप आधारीत टॅक्सी सेवा चलता.  गोवा माईल्स सेवेक लागून टॅक्सी भाडे दरात पारदर्शकता येवपाक आनी प्रवाशांक थाकाय मेळपाक मदत जातली.  तशेंच गोंयच्या पर्यटनाक उर्बा दिवपाखातीर पर्यटन खातें देशासयत आंतरराष्ट्रीय मळार वेगवेगळया कार्यक्रमांनी सहभागी जाता.  गोंय राज्याक सेगीत दोन वर्सां राष्ट्रीय पर्यटन पुरस्कार फावो जाला, ही आमका सगळयांखातीर अभिमानाची गजाल जावन आसा.

गोंय राज्यात सरासरी 88.7 टक्के साक्षरतेचे प्रमाण आसा. 2016 वर्सा गोंयात आयआयटी स्थापन जाली आनी आता गोंय हे देशातले उच्च शिक्षणिक केंद्र करपाखातीर 2035 मेरेन भारतीय विज्ञान, शिक्षण आनी संशोधन संस्था आनी भारतीय वेवस्थापन संस्था स्थापन करपाचो विचार चलता. राज्यातली वास्को, मडगांव आनी पणजी ही शारां स्मार्ट सिटी म्हुण विकास करपाचोय प्रस्ताव आसा.

2018 वर्सा आमी आमचे राष्ट्रपिता महात्मा गांधी हांचे 150 वे जयंती वर्स म्हुण मनयतात. त्या निमतान राज्यात अनेक कार्यक्रमांचे आयोजन करतात. 2 ऑक्टोबर 2018 दिसा हांवे पोरण्या गोयात शाळां भुरग्यांच्या प्रभात फेरीची बावटो दाखोवन सुरवात केली. 2 ऑक्टोबर 2018 दिसा राजभवनार भजनाचो कार्यक्रम आयोजित करून महात्मा गांधीजीक श्रध्दांजली ओपली. तशेंच सरकारी खात्यांच्या सहकार्यान राज्यभर गांधी समग्र कार्यक्रम आयोजित केलो. हया कार्यक्रमातल्यान मतदारसंघ आनी ग्राम पातळीचेर प्रभात फेरी काडल्यो. तशेंच निबंद, पथनाटय आनी हेर सर्ती आनी कार्यक्रम जाले. हांवे गांधीजीच्या तत्वज्ञानाच्या वेगवेगळया विशयाचेर घोशणा बरोवपाची सर्त आयोजित करपाची सूचोवणी केल्ली आनी ते प्रमाण राज्यात माध्यमिक, उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालय पातळीचेर तशी सर्त आयोजित केली. हया सर्तीतल्या जैतवंताक 19 डिसेंबराक गोंय मुक्ती दिसा राजभवनार जावपी कार्यक्रमात पुरस्कार भेटयतले.

हांव तुमकां सगळयांक सांगपाक सोदता, की हया वर्सा हांवे म्होंवामूस पोसप, पॉटरी आनी चरखाकामाचे प्रशिक्षण दिवपाखातीर कुशळताय विकास कार्यक्रम आयोजित करपाक फुडाकार घेतलो. खादी आनी ग्राम उद्देग महामंडळाच्या सहकार्यान 23 जानेवारी ते 25 जानेवारी मेरेन राजभवनार म्होंवामूस पोसपाचे प्रशिक्षण आयोजित केले. राजभवनार चरख्याचेर विणकाम करपाचे प्रात्यक्षिक तथा प्रशिक्षण केंद्र स्थापन केले. म्होंवामूस पोसपाच्या प्रशिक्षणाचो लाव राज्यातल्या 25 शेतकारांनी घेतलो. खादी ग्राम उद्देग महामंडळान निवड केल्ल्या आपवावूरपी संस्थानी प्रशिक्षण दिले. मोरजी गांवच्या पारंपारिक मातीकाम कारागिरांक प्रोत्साहन म्हुण सोलर पॉटरी व्हील्स भेटयली.

23 सप्टेंबर 2018 दिसा हांवे गोंयात प्रधानमंत्री जन आरोग्य योजना-आयुषमान भारत भलायकी येवजणेची सुरवात केली. ज्या येवणजेचो 36,500 कुटुंबांक फायदो जातलो. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी देश पातळीचेर हया येवजणेचो शुभारंभ केलो. समाजातल्या दुबळया घटकांक उत्कृश्ट भलायकी सेवा दिवपाची खात्री हया येवजणेतल्यान दिल्ली आसा.

लावधारकांक 5 लाखाची भलायकीची हमी दिवपी केंद्रीय येवजणेची देशातल्या अनेक लोकांचो जीव वाचोवपाक मदत जातली आनी समाजातल्या गरीब लोकांक ही येवजण वरदान थारतली. ''जेन्ना पयसो शेणटा, तेन्ना तो परत जोडपाक जाता, पूण जर भलायकी शेणली जाल्यार सगळे शेणटा''.

राज्य सरकार राज्यातल्या लोकांक उत्कृश्ट भलायकी सेवा दिवपाचो प्रयत्न करता ही गजाल तोखणायेची आसा. पर्यटन वाठारांत आनी रस्ता अपघात, बुडपाच्यो घडणूको आनी हेर प्रसंगार तातडीची सेवा दिवपाखातीर सरकारान 20 मोटरसायकल एम्बूलन्सी सुरू केल्यात. हया दुचाकी एम्बूलन्सींक अपघातात सापडिल्ल्याचो जीव वाचोवपाक मुळाव्यो उपचार सुविधा आनी ऑक्सीजन सिलिंडर आसात आनी ज्या जाग्यांचेर 108 एम्बूलन्सी वचपाक शकनात थंय दुचाकी एम्बूलन्सी रोकडयो पावतात आनी सेवा दितात.

स्वच्छ भारत अभियान म्हज्या काळजात सदाच लागीचे आसा आनी राज्यात सगळया स्थळांचेर नितळसाण राखपाक लोकांमदी बरी जागृताय करपाक स्वच्छ भारत अभियानाच्यो ब्रँण्ड एम्बासडर म्हुण हांवे भरपूर प्रयत्न केल्यात. मानादीक प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी 15 सप्टेंबर 2018 ते 1 ऑक्टोबर 2018 मेरेन ''स्वच्छता ही सेवा'' मोहिम चालीक लायली. हया मोहिमेखाला राज्यात सगळीकडेन अनेक कार्यक्रम जाले. स्वच्छता ही सेवा मोहिमेचो एक भाग म्हुण 26 सप्टेंबर दिसा हांवे साळगांवच्या घनरूप कोयर वेवस्थापन प्रकल्पाक भेट दिली. हया भेटीवेळार हांवे थंयच्या कामगारांच्या सुरक्षेविशी विचारपूस केली. हांवे अधिका-यांवांगडा बसका घेवन प्रकल्पात जावपी कोयर प्रक्रियेचेर भासाभास केली. 27 सप्टेंबराक हांवे बांबोळीच्या गोंय वैजकीय महाविद्यालय प्रकल्पातल्या बायोमेडिकल कोयर वेवस्थापन आनी सेव्हिज प्रक्रिया प्रकल्पाक भेट दिली. स्वच्छ भारत अभियानाखातीर नियुक्त केल्ल्या देशभरातल्या एम्बासडर्स प्रतिनिधीची नियाळ बसका घेतली. स्वच्छ भारत अभियान ही एक चळवळ जावन सबंद देशात तीचो बरो परिणम दिसून आयला. आयज समाजामंदी नितळसाणेविर्शी म्हत्वाचो मानसिक बदल दिसून आयिल्लो आसा. हांवे संबंदीताक गांधी जयंती दिसा 2 ऑक्टोबर 2018 सावन सुरू जावपी फुडल्या एका वर्सा खातीर स्वच्छ भारत अभियान कृती आराखडो तयार करपाक सांगले. स्वच्छ भारत अभियानाखाला राज्यभर सुमार 60,000 बायो-टॉयलेट बांदपात येतले, अशीय म्हायती म्हाका मेळील्ली आसा. हांव गोंयच्या लोकांक उलो मारता की तांणी आपले राज्य नितळ आनी सोबीत राखपाखातीर हया म्हत्वाच्या अभियानाक आपले सहकार्य आनी योगदान दिवचे. भुरग्यांक नितळसाणेच्या मुल्यांविशी सुशिक्षित करपाची गरज आसा, जेणे करून ती हो संदेश कुटुंब आनी समाजामेरेन पावयतली.

म्हज्या मतान नितळसाण म्हळयार न्हय फकत स्थळांचेर नितळसाण राखप जाल्यार सकारात्मक विचार, मनशुध्दी, शरीरशुध्दी आनी विचार शुध्दीचीय गरज आसची पडटा जे जीणेचे आवश्यक घटक जावन आसा. गोंय हे आमच्या देशातले पयल्या क्रमांकाचे एक नितळ राज्य म्हुण पळोवपाची म्हजी इत्सा आसा आनी ती फकत गोंयच्या लोकांच्या प्रयत्नांतल्या पूर्ण जांवक शकता.

स्वच्छ भारत अभियान एक पावल फुडें व्हरपा खातीर सरकारान राज्यातल्या कांय नगरपालिकांनी प्लास्टीक बंदी लागू केल्या. लोकांनी पेपर बॅग्स वापरचे म्हूण भर दिल्लो आसा. पेपर बॅग्स करून तांची पुरवण करपाक लोकांक प्रोत्साहन दितात. पेपर आनी कपडयाच्या बॅगांचो वापर जावपाक लागिल्ल्यान सावकासायेन प्लास्टीक बॅग्स वापरपाचे बंद जावपाक नक्कीच मदत जातली. शारांतल्या साबार वेवसायिकांनी पेपर आनी कपडयांचे बॅग्स वापरपाक सुरूवात केल्ली आसा. नगरपालिका प्रमाण ग्राम पंचायत वाठारांनीय प्लास्टीक वापराचेर बंदी हाडपाचे काम रोखडेच जातले.

हांवे ''गाँव और हम'' कार्यक्रम सुरू केला आनी हया कार्यक्रमाखाला हांवे प्रत्येक म्हयन्याक दोन तरी गावांनी भेट दिवन ग्रामस्थ आनी लावधारकांवांगडा केंद्र आनी राज्य सरकारावतीन चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळया येवजणांचो नियाळ घेवपाचो कार्यक्रम आखला. 30 ऑक्टोबर 2018 दिसा नेवरा ग्रामपंचायतीक भेट दिवन गावच्या लोकांवांगडा संवाद सादपाचे भाग्य म्हाका लाभले. उन्नत भारत अभियान कार्यक्रमाखाला गोंय विद्यापिठान तिसवाडी तालुक्यातलो नावशी-पिरभाट, काक्रा, पाळे-शिरदांव, केपे तालुक्यातलो गुडी-पारोडा आनी फोंडा तालुक्यातलो मडकय गांव दत्तक घेतला. गोंय विद्यापीठाच्या 87 विद्यार्थ्यांनी हया पांच गावांनी भेट दिवन आनी थंय रावन गावक-यांवांगडा संवाद सादलो ही अभिमानाची गजाल जावन आसा.

दलाई लामा हांणी म्हणला, ''संवसारातल्या शांतीकायेखातीर आमच्या वेगवेगळया धार्मिक परंपरांमदी सलोखो आसपाची गरज आसा''. सलोख्या बगर शांतीकाय आसप शक्य ना हे सत्य आसा आनी शांतीकायेबगर प्रगती जावप शक्य ना. धार्मिक सलोखो हो सगळयात म्हत्वाचो आसा. भोवसमाजात वेगवेगळया धार्मिक श्रध्देचे लोक एकठांय वांगडा रावतात. जर कसल्याय कारणाक लागून संघर्श निर्माण जालो जाल्यार गंभीर असलोख्याची परिस्थिती निर्माण जावन समाज आनी देशाच्या विकासाक आडखळ येवपाक शकता. गोंयच्या समाजाक पोर्तुगीज वसणूकवाद धोरणांच्या उठावाक लागून जातीय ताणतणावाक तोंड दिवचे पडले

आसले, तरी आयज गोंयात सामाजिक विविधताय आसून लेगीत शांतीकाय नांदता. समाजात संप्रदायिक नाते मजबूत करपाक आनी हेर समाजांक बरो संदेश दिवपाखातीर विशेश करून धर्म आनी धार्मिक उत्सव म्हत्वाचे आसा. अशा उत्सवातल्यान धार्मिक वळख आनी जातीय सलोखो दिसून येता. गोंयात ख-यानीच विविधतायेत शांतीकाय नांदता आनी ते खातीर हांव प्रत्येकांकडेन राज्यात एकवटाची भावना उचलून धरपाची आनी शांतीकाय आनी सुवेवस्था राखपाची मागणी करता.

तशेंच तुमकां सगळयांक एक बरी बातमी दिवपाक सोदता की, 2019 वर्साच्या जानेवारी म्हयन्याच्या पयल्या आठवडयासावन राजभवन लोकांखातीर उक्ते करपात येतले. हे आदी केन्नाच राजभवनार भेट दिवक नाशिल्ल्या प्रत्येक नागरीकाखातीर राजभवन वाठारांचे सौंदर्य पळोवपाची ही एक बरी संद आसा. हांव आस्त बाळगीता की प्रत्येक जण ही संद घेवन राजभवनाक भेट दितलो आनी इतिहासिक वारशाचे सौंदर्य आपल्या दोळयांनी पळयतलो. त्याच वांगडा हांव प्रत्येकाकडेन मागता की तुमी जेन्ना राजभवनार भेट दितले तेन्ना राजभवन आवारात सभ्यताय, शिस्त आनी प्रतिशठा राखची. म्हज्या कार्यालयाकडल्यान लोकांक राजभवनात प्रवेश दिवपाचे सोपस्कार रोकडया रोकडे पूर्ण करपात येतले'' अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1819